**उद्देगांचो कामकाज सुरू करपाक आनी सी-फॅरर्सां क्वारंटाईन करपाक एसईसीच्यो सोयी सुविधा**

खलाशांक क्वारंटाईन दवरपाचे सुविधे खातीर धार्मीक संस्थां अतिरिक्त हॉटेल/हॉस्टेलांनी अशे तरेच्या समान रुमांची उपलब्धताय पळोवन कांय विशिश्ट पध्दती घालून राज्यांतल्या उद्देगांची कार्यपध्दत आनी तांचे कामकाज सुरळीत करपाचो निर्णय राज्य कार्यकारिणी समितीचे बसकेंत घेतलो.

दर पात्र उद्देगीक युनीटाक रंगा सयत वेगळो वाहन स्टिकर दिवपाचें थारायला आनी आयडीसीच्या फिल्ड मॅनेजरा वरवी एक क्यूआर कोड संबंदीत जिल्लोधिकार्यां कडल्यान उपलब्ध करून दिवपाचो निर्णय घेतलो. ह्या युनिटांच्या संबंदीत सेवां खातीर समान प्रक्रिया लागू करतले.

मुख्य सचीव, आयएएस श्री. परिमल राय हांच्या अध्यते खाला काल रान भवन हांगा जाल्ले राज्य कार्यकारिणी समितीचे बसकेंत कायदो आनी सुवेवस्था, ट्रकांची येरादारी, मजत निवारो आनी हेर समस्यांचेर निर्णय घेतलो.

मुख्य सचीव, विज्ञान आनी तंत्रज्ञान आयएएस श्री. पुनीत कुमार गोयल, येरादारी सचीव आयएएस श्री. एस. के. भंडारी , महसूल सचीव, राज्य कार्यकारिणी समिति वांगडी सचीव आनी एसडीएमए आनी हेर हे बसकेक उपस्थीत आशिल्ले.

उद्देग संघटनेच्या प्रतिनिधीं बरोबर जाल्ल्या बसकें बाबत एसईसीक माहिती दितना प्रधान सचिव हांणी सांगलें कि सुमारे 4500 उद्देग आसात जांतूंत सुमारे 3-3.5 लाख कामगार आसात जों 23 उद्देगिक क्षेत्रांत कार्यरत आसात आनी सुमारे 300 उद्देगिक युनीट्स, उद्देगिक क्षेत्रा आनी नगर पालिका हद्दे भायर अस्तितवात आसात. एमएचए कन्सोलिडेटेड ऑर्डरीन नमूद केल्ल्या सगळे नेम वा अटींचे पालन उद्देगिक युनीटांक करचे पडटलें.

पयली पर्यटन खात्यान वळखून दवरिल्ल्या हॉटेलांची निरिक्षण सुरू करचे आनी चर्च, देवळां आनी हेर धर्मिक संस्थां कडेन त्याच बशेन आसलेल्या रुमांची उपलब्धता तपासपाचें निर्देश जिल्लोधिकाऱ्याक दिल्यात जेणेकरून सी-फॅरर्सां खातीर विकती (paid) क्वारंटाईन सुविधा दितना तांची संख्या आनी अनुकूलता कळटलीं.

गोंयांतल्या शिक्षणीक संस्थानांत उपलब्ध आशिल्ल्या वस्तीगृहांची यादी तयार करपाक शिक्षण सचिवांक सांगला जांचो वापर सी-फॅरर्सांक क्वारंटाईन करपा खातीर जातलो.

एसईसीन थारायलां कि एमएचएच्या मार्गदर्शक तत्वांचे अनुपालन जाल्या उपरांत फिल्ड मॅनेजर परिभाशींत स्वरुपांतले हमीपत्र घेवन गाडयांक स्टिकर पास दितलो आनी स्टिकर गाडयेच्या एका विशिश्ट भागाचेर लावचो पडटलो आनी जे प्रवासी ह्या गाडयांतल्यान येरादारी करलते तांचे कडेन तांच्या युनीट्सांनी जारी केल्ले ओळखपत्र आसपाक जाय.

प्रत्येक पात्र उद्देगिक आस्थापनाक Google फॉर्म भरचो पडटलो.

उद्देगीक संघटने कडल्यान प्रसारित केल्ले http://forms.gle/SVigsABQJdMgR7pd6) हे फॉर्म उद्देगीक वसाहतींच्या संघटने वरवी माहिती एकठांय करतले. ही यादी संबंदीत जिल्लोधिकारी, फिल्ड मॅनेजर, एमडी जीआयडीसी कडेन दितले.

उद्योगीक वसाहतीच्या भायल्या उद्योगांनी, प्रत्येक पात्र उद्येगीक युनीटान उद्येगीक संघटने वरवीं प्रसारित केल्या समान गुगल फॉर्म https://forms.gle/SVigsABQJdMGR7pd6) भरचें आनी तांचे स्टिकर्स एकठांय करपा खातीर लागींच्या उद्योगीक वसाहतीचे नांवाचे दिवचें..

खात्यान 1000 थर्मल गन विकते घेतल्यात, गोंयात रोखडीच तांची पुरवण जातली आनी तपासणी/जलद चांचणी खातीर भारत सरकारा कडल्यान अतिरिक्त 4000 रॅपिड टेस्टिंग कित्स मेळटले अशी माहिती भलायकी सचीवान दिली. 3 एप्रिल 2020 उपरांत कोविड -19 चे नवे प्रकरण मेळूंक ना. एसईसीन 2000 थर्मल गन विकते घेवंक सहमती दिल्या आनी सगळ्या खात्यांक थर्मल गनाचे मागणे खातीर भलायकी खात्यांक कळीत करूंक सांगल्या. उत्तर जिल्लो सयत डीएमएफतल्यान रॅपिड टेस्टिंग कीट विकत घेवंक सरकारान मंजुरी दिल्या.

एसईसीन जिल्लोधिकार्यांक शिमेचेर तैनात पॅरामेडीकल वापराचे मूल्यांकन करूंक सांगला, तांच्या तैनात युक्तीसंगतते खातीर, जेणे करून तातूंतले कांय आरएमडी/उपकेद्रांचेर कर्तव्या खातीर परत बदलपाक येता कारण भलायकी सचीवान सांगला की सगळ्या आरएमडी आनी उपकेंद्र योजने नुसार कार्यान्वित करतले.

गोंयच्या पर्यटकांची संख्या मर्यादीत आशिल्ल्यान हॉटेल्सांचे कामकाज सहज जावचें म्हणून एसईसीन कांय मर्यादीत हॉटेल्सांक पर्यटकांच्या सुविधांची यंत्रणा तयार करपाचे थारायला.

एसईसी कडेन सोऱ्याची चोरयां विक्री विशीं काय तक्रारी आयल्यात म्हणून अबकारी आयुक्ताक लॉकडावन मुदती मेरेन जर कोणूय असल्या भानगडीन सापडल्यार त्या घाऊक विक्रेत्यांचे आवार/गुदांव सील करपाचे निर्देश दिल्ल्यात आनी तशेंच किरकोळ विक्रेत्या आड कायद्या प्रमाणें कारवाय करपाक सांगलां .

सगळ्या पंचायतीन मान्सून पूर्व आनी निर्जंतुकीकरण करपाचे काम सुरू केल्ला अशें पंचायत संचालकान एसईसीक सांगले. खात्यान रोखडेच मजत कार्य करपाक खातीर 105 दुबळ्या पंचायतीक प्रत्येकी 25 हजार रुपयां वापरा विशी सूचना दिल्यात.

कांय मार्गदर्शक बदल करून म्हाल वाहनांच्या हालचालींचेर नदर दवरपा खातीर एसईसीन वेबांचेर आदारीत सेवेच्या मॉड्यूलांक हयकार दिलो.

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA